# <u>येरादारी पुलीसांक कागाळींचे चित्रण करपाक कॅमेरे</u>

ता. 5 सप्टेंबर 2018

14 भाद्रपद 1940

येरादारी पुलीस विभागान येरादारी नेमांची अंमलबजावणी करतना येरादारी पुलीसांक येवपी अडचण पयस करपाखातीर कॅमेरे खरेदी केल्यात. अशा कॅमेरातल्यान येरादारीचे नेम मोडप्यांक दिवपात येवपी चलन आनी त्या वेळार जावपी संवादाचे चित्रण करतले.

खुप वेळा येरादारीचे नेम मोडपी व्यक्ती चलन दिवपी अधिका-यावांगडा वाद घालतात अशें दिसून आयला. तेन्ना वरिश्ट येरादारी पुलीस अधिका-यांक कॅमेरातले चित्रण पळोवन खरी परिस्थिती जाणून घेवपाक मदत जातली. तशेंच चुकीचे आरोप जावपाचे बंद जातले. अशा कॅमेराच्या वापरातल्यान लोकांक वा चलन दिवपी अधिका-याक कसलेच त्रास जावचे ना हाची जतनाय घेतले.